1920

मुखेल खबरो

- LPG gas cylinder चो राज्यात मुबलक साठो आसा तशेच गाडयाच्या पेत्रोलाचो फुडल्या आठ दीसाचो मुबलक इंधन साठो आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगला.

- गोंयचे राज्यपाल पूसापति अशोक गजपती राजू हांणी राम नवमीच्या शुभ निमतान गोंयच्या लोकांक उर्बे भरीत परबीं दिल्या.

- वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक १५० वर्सा पुराय जावपाच्या इतीहासीक खिणा निमतान आयज सरकारी कार्यालयां तशेंच शिक्षणीक संस्थांनी वंदे मातरमाचे सामुहीक गायन जालें.

- आकाशवाणी फाल्या सावन आपल्या सकाळच्या प्रसारणाची सुरुवात राष्ट्रगीत 'वंदे मातरम'च्या पुराय आवृत्तीन करतली.

RASHMI

LPG gas cylinder चो राज्यात मुबलक साठो आसा तशेच गाडयांच्या पेत्रोलाचो फुडल्या आठ दीसाचो मुबलक इंधन साठो आसा. लोकांनी petrol पंपाचेर रांको करच्यो न्ही . commercial gas cylinder quota फाल्याच्यान 20% वेल्यान 40% वाडयतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत दील्या.

‘मझे घर’ येवजणे खाला अर्ज सादर करपा खातीरची मुजत एक वर्स वाडोवप म्हणल्यारूच मार्च 2027 मेरेन करपाचो निर्णय आयज मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दीली.

तिवरे-वर्गांव पंचायत कार्यालय आशिल्ल्या जाग्या खातीर भाडें माफ करपाचो निर्णय लेगीत ह्या बसकेत जाला.सांखळी मतदारसंघांतल्या दक्षिण म्हावळिंगे हांगा कलम 39 (अ) खाला सुमार 80 हजार चौखण मिटर जमनीचो वाठार बदलपाचो प्रस्ताव रद्द जातलो. मुख्यमंत्र्यान हे विशीं नगर नियोजन मंत्रीक सुचोवण्यो जारी केल्यात.

DIP

गोंयचे राज्यपाल पूसापति अशोक गजपती राजू हांणी राम नवमीच्या शुभ निमतान गोंयच्या लोकांक उर्बे भरीत परबीं दिल्या.राम नवमीच्या शुभ निमतान गोंयच्या लोकांक हांव उर्बे भरीत परबीं दितां. हो पवित्र उत्सव धर्म, सद्‌गुण, करुणा आनी आदर्श राजा हांचे मूर्त श्री राम हाच्या जल्माचें प्रतीक आसा. भगवान श्री राम हांका मर्यादा पुरुषोत्तम म्हणून वळखतात. रामाचें जिवीत आमकां आमच्या दिसपट्ट्या जिणेंत सत्य, न्याय, मनीसपण आनी देवाची भक्ती ह्यो मुल्यां पाळपाची प्रेरणा दिता अशे आपल्या संदेशांत राज्यपालानी म्हळा.

ह्या शुभ प्रसंगाचेर धर्माच्या तत्वां कडेन आमची वचनबद्‌धतायेचो पुनरोचार करून आमच्या समाजांत शांतताय, समरसताय आनी समृध्दी खातीर एकठांय वावुरया.

राम नवमीचो हो उत्सव आमकां सगळ्यांक सुख, बरी भलायकी आनी समृध्दी हाडून आमकां सत्याच्या मार्गाचेर मार्गदर्शन करूं, अशें राज्यपालानी आपल्या संदेशांत म्हळा.

सुशांत

गोयच्या तियात्र मळार नामना जोडपी म्हालगडे तियात्रिस्त सी. डिसिल्वा हे फाल्या २६ मार्चाक आपले पिरायेची 90 वर्सां पुराय करतात. ते खातीर गोवा तियात्र अकादमीवतीन फाल्या तांचो मडगाव हांगाच्या रवींद्र भवनात जाहीर भोवमान कारपाचे थारायला. भौशिक बांधकाम मंत्री दिगंबर कामत हे ह्या वेळार मुखेल सोयरे म्हणून हाजीर आसतले.

मडगाव रवींद्र भवनच्या परिषद घरात दनपरा साडे तीन वरांचेर ही कार्यावळ जातली. ह्या वेळार मिनीन द बांदार आणि एडविन डिकॉस्टा हांचोय भोवमान करतले अशी माहिती गोवा तियात्र अकादमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोजा हाणी दिली. रायचे आदले सरपंच पीटर क्वाद्दश आणि रवींद्र भवन मडगावचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक ह्या वेळार हाजीर आसतले.

महेश

गोंयांत डिजिटल गव्हर्नन्साचे बळगें वाडत आसा, राज्यांतल्यो सगळ्यो ग्रामपंचायती आतां ‘ई-ग्रामस्वराज’ प्लॅटफॉर्माक जोडल्यात. पंचायती राज मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण गोंयांतल्यो सगळ्यो 191 ग्राम पंचायती ‘ई-ग्रामस्वराज’ पद्दतीन एकठांय केल्यात. हाका लागून प्रशासन, नियोजन आनी निधी वेवस्थापनांत पारदर्शकतायेंत खूब सुदारणा जाल्या. तातूंतल्यो 117 ग्राम पंचायती सध्या ऑनलायन अर्थीक वेव्हार करतात, आनी चालू अर्थीक वर्सा ह्या वेव्हारा वरवीं केल्ल्या फारीकणीची रक्कम 19 कोटी रुपयां परस चड जाल्या. प्लॅटफॉर्म ऑनलायन नियोजन सुविधा दिता; तशेंच ‘पी एफ एम एस’ (भौशीक अर्थीक वेवस्थापन प्रणाली) वरवीं ‘रियल-टायम’ फारीकणी आनी उदरगतीच्या कामांचेर नियंत्रण दवरप सक्षम करता. तशेंच गोंयाक केंद्र सरकारा कडल्यान ‘राष्ट्रीय ग्राम स्वराज अभियान’ खाला अर्थीक मजत मेळ्ळया. ह्या निधीचो उपेग मुळावी बांदावळ घटमूट करपाक आनी संगणक खरेदी करपाक केला. 2025-26 वर्सा खातीर नवी प्रणाली स्थापन करपा खातीरय मान्यताय दिल्या.

ह्या उपक्रमाक लागून राज्यभरांतल्या ग्रामीण प्रशासनांत डिजिटल सेवांची कार्यक्षमताय, जापसालदारकी आनी उपलब्धताय सुदारता अशें अधिकाऱ्यांनी सांगलां.

ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रावेल्यान आयकतात

रश्मी

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक १५० वर्सा पुराय जावपाच्या इतीहासीक खिणा निमतान अयज सरकारी कार्यालयां तशेंच शिक्षणीक संस्थांनी पुराय वंदे मातरमचे सामुहीक गायन जालें. सरकारी कार्यालयां, शिक्षणीक संस्था, पंचायती, नगरपालिकां सयत भौशीक थळांचेर आयज सकाळी १०.१५ वरांचेर वंदे मातरम गायनाचो वेळ थारायिल्लो असो आदेश सर्वसादारण प्रशासन फाट्यान जारी केल्लो. बंकीमचंद्र चटर्जी हांच्या वंदे मातरम गीताक १५० वर्सा पुराय जातात. ह्या निमतान ७ नोव्हेंबर २०२५ ते ७ नोव्हेंबर २०२६ मेरेन वर्सभर कार्यावळी करपाचो निर्णय केंद्र सरकारान घेतला. कार्यावळींचे पयले दोन पावंडे जाल्या उपरांत आतां २३ मार्च ते ३० मार्च २०२६ मेरेन खासा तिसरो पावंडो जातलो. शहीद दिसा निमतान पुराय वंदे मातरमचे सामुहीक गायन करपाचे आदेश केंद्रान दिल्यात. हाका लागून आयज सरकारी कार्यालयां तशेंच शिक्षणीक संस्थांनी वंदे मातरमचें सामुहीक गायन जालें. पर्वरे सचिवालयात लेगीत सचिवालयाच्या कर्मचाऱ्यांनी आयज वंदे मातरम समुह गीत गायन केले. ह्यावेळार राज्याचे मुखेल सचीव वी .कान्दावेलु हांणी लेगीत वाटो घेतील्लो.

'वंदे मातरम'

आकाशवाणी फाल्या सावन आपल्या सकाळच्या प्रसारणाची सुरुवात राष्ट्रगीत 'वंदे मातरम'च्या पुराय आवृत्तीन करतली. स्वातंत्र्यापासून, आकाशवाणी आपल्या केंद्राचेर सकाळच्या प्रसारणाची सुरुवात त्यांच्या प्रतिष्ठित सिग्नेचर ट्यूनान आणि उपरांत 'वंदे मातरम'च्या दोन कडव्यांच्या आवृत्तीन करपाची परंपरा आसा.

माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान सांगले की, स कडव्यांच्या राष्ट्रगीतासंदर्भात गृह मंत्रालयाच्या हालीच्या मार्गदर्शक तत्त्वां प्रमाण आकाशवाणीची सगळी केंद्रा फाल्या सावन राष्ट्रगीताची पुराय आवृत्ती प्रसारित करपाक सुरुवात करतली. या पुराय आवृत्तीचो कालावधी ३ मिनिटां १० सेकंद आसा. सुरुवातीक प्रसारित जावपी  आवृत्ती प्रसिद्ध हिंदी शास्त्रीय गायक पंडित चंद्रशेखर वझे हांणी राग 'देसात' गायल्ली . मंत्रालयान सांगले की, संगीतातली विविधता दर्शोवपाक पुराय ६ कडव्यांचे 'वंदे मातरम' प्रादेशिक आवृत्त्यांनी रेकॉर्ड करप सुरु आसा. ह्यो  आवृत्ती संबंधित राज्यांतल्या आकाशवाणी केंद्रांवरवी स्वीकारतले.

सुभाष

सेंसस २०२७ च्या कामाखातीर प्रशिक्षण कार्यावळी सुरू जाल्यात. पयल्या पांवड्यार प्रशिक्षकांक प्रशिक्षीत करपाचो वावर चलला अशें सांखीकी खात्याच्यो प्रभारी चेष्टा यादव हांणी सांगले. त्यो काल दक्षीण आनी कुशावती जिल्हयाखातीरच्या प्रशिक्षकांच्या प्रशिक्षण शिबीरांत उलयताल्यो. ह्या ३ दिसांच्या प्रशिक्षण शिबीराचो आयज समारोप जालो. उच्च माध्यमिक शाळांचे प्राचार्य, माध्यमिक शाळांचे मुख्याध्यापक, महाविद्यालयांचे व्याख्याते, प्रशिक्षक, या प्रशिक्षण कार्यावळींत सहभागी जाल्यात. जनगणनेचो वावर पुराय करपाक प्रशिक्षीत मनीसबळाची गरज आसा आनी हो वावर गंभीरतायेन पुराय जायत जाल्यार मेळील्ल्या म्हायतीचो वापर देशाच्या अर्थिक उदरगतीखातीर जातलो अशे चेष्टा यादव हांणी सांगले. फुडल्या सप्तकांतल्यान  प्रगणक प्रशिक्षण वावर सुरू जातलो. १ ते १५ एप्रिल मेरेन पोर्टलावेल्यान स्वतःची म्हायती स्वताक भरपाक मेळटली. उपरांत ती म्हायती घरांत येवन म्हायती एकठांय करपी प्रगणाक दिवची पडटली.

महेश

गिरायक संरक्षणाच्या एका व्हड निर्णयांत केंद्रीय गिरायक संरक्षण प्राधिकरणान हॉटेल आनी रेस्टॉरंटांक बिलांत 'एलपीजी शुल्क' वा 'इंधन अधिभार' सारकिले अतिरिक्त शुल्क घेवपाक बंदी घालपी नोटीस जारी केल्या.गिरायक संरक्षण कायदो, 2019 खाला अशा पद्दतींक अन्यायकारक अशें प्राधिकरणान सांगलां.खूपशी आस्थापना मेन्यूमधल्यो किमती आणि करांव्यतिरिक्त हे शुल्क आपोआप आकारताली जाका लागुन पारदर्शकतेचो उणाव  निर्माण जातालो  आनी गिरायकांक चड खर्च करपाक लागताले अशें प्राधिकरणान नोंद केलां. इंधन आनी वीज सारकिल्या कार्यकारी खर्चाचो मेनू दरांत आस्पाव करपाची गरज आसा अशें सुचोवणेंत स्पश्ट केलां. अशे कसलेच शुल्क आपोआप जोडूंक मेळचे नात.गिरायक 1915 कडेन फोन करून, मोबायल ॲप वापरून वा ई-जागृती पोर्टला वरवीं कागाळी दाखल करून नेमाचें उल्लंघन जाल्याची माहिती  राष्ट्रीय गिरायक  हेल्पलायनीक दिवंक शकतात. नेम मोडपी लोकांचेर खर कारवाय करपाची शिटकावणी दिल्या.

निर्मला

लोकसभेन अर्थ विधेयक, २०२६ आवाजी मतदानान मंजूर केला. या विधेयका वरवी केंद्र सरकारच्या २०२६-२०२७ या आर्थिक वर्सा खातीर आर्थिक प्रस्तावांना अंमलात हाडपाचो प्रयत्न करतात. सरकारान मांडील्या दुरुस्त्यांक सभागृहान मंजुरी दिल्या. आज सभागृहात अर्थ विधेयक, २०२६ वेल्या चर्चे क जाप दितना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हाणी  म्हणले की, सरकार सूक्ष्म, लघु आणि मध्यम उद्योग (MSMEs), शेतकार आणि सहकारी संस्थांक सक्षम करता, कारण ते रोजगार निर्मिती, उत्पादन आणि देशाच्या सर्वांगीण विकासाच्या केंद्रस्था नार आसात.

स्पोर्ट्स

16 ते 22 एप्रील 2026 मेरेन दिल्लीच्या थ्यागराज स्टेडियमांत जावपी 69व्या राष्ट्रीय शाळा खेळां सर्ती खातीर गोवा राज्य पंगडाक वांटो घेवपा खातीर खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय टेबल टेनिस अंडर-14 चले आनी चलयां मदीं निवड चांचणी करतले.

निवड चांचण्यो 30 मार्च 2026 दिसा इंडोर हॉल कंपाल सकाळीं 9.30 ते 10.30 मेरेन जातल्यो. 14 वर्सां सकयल निवड चांचण्यां खातीर पात्रताय अशी आसा. खेळगडे 01 जानेवारी 2012 दिसा वा ताचे उपरांत जल्मल्ले आसूंक जाय, वेंचून काडिल्ल्या खेळगड्यांक पात्रताय फॉर्मा वांगडा दोतोरा कडल्यान पिराय सत्यापन चांचणी प्रमाणपत्र (एव्हीटी) सादर करचें पडटलें आनी 14 वर्सां सकयले खेळगडे यत्ता 12वि वा ताचे सकयल शिकपी विद्यार्थी आसूंक जाय, पूण सव्वी वर्गा सकयल आसुंक फाव ना. तेच प्रमाण नोंदणी करतना खेळां कार्ड/शाळा आयडी कार्ड सक्तीचे आसा.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३३. ६अंश celcius जाल्यार किमान तापमान २४.४ अंश celcius नोंद जाला.

आनी आता परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

LPG gas cylinder चो राज्यात मुबलक साठो आसा तशेच गाडयाच्या पेत्रोलाचो फुडल्या आठ दीसाचो मुबलक इंधन साठो आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगला.

गोंयचे राज्यपाल पूसापति अशोक गजपती राजू हांणी राम नवमीच्या शुभ निमतान गोंयच्या लोकांक उर्बे भरीत परबीं दिल्या.

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक १५० वर्सां पुराय जावपाच्या इतीहासीक खिणा निमतान आयज सरकारी कार्यालयां तशेंच शिक्षणीक संस्थांनी वंदे मातरमाचे सामुहीक गायन जालें.

आकाशवाणी फाल्या सावन आपल्या सकाळच्या प्रसारणाची सुरुवात राष्ट्रगीत 'वंदे मातरम'च्या पुराय आवृत्तीन करतली.

आनी इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो आमच्यो मुखावेल्यो प्रादेशिक खबरो आयकात फाल्या सकाळी ७ वरा २५ मिनटाचेर नमस्कार